## महसूल विभागाच्या अधिकाऱ्यांनी लोकांचे प्रस्न सोडोवपाक सरकाराक मदत करची-मुख्यमंत्री

ता. 8 एप्रिल 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल सचीवालयात म्युटेशन, रूपांतरण, बेकायदेशीर बांदकामा, कृशी नुकसान भरपाय, मुंडकार दावे आनी हेर प्रस्न निकालात काडपाच्या उद्देशान महसूल विभागाच्या अधिकाऱ्यांवांगडा बसका घेवन कामांचो नियाळ घेतलो.

महसूल विभाग हो एक म्हत्वाचो विभाग आसून ह्या विभागाकडेन सर्वसामान्यांचो थेट संपर्क येता. सर्वसामान्यांचे प्रस्न ह्या निभागात सोडयले वतात आनी त्या खातीर अधिकाऱ्यांनी लोकांचे प्रस्न सोडोवपाक अनुकूल रावन सर्वसामान्यांचो विश्वास मेळोवपाक जाय, अशें मुख्यमंत्र्यांन सांगलें.

अनेक वर्सांच्या सेवेचो अणभव आशिल्ल्या उपजिल्हाधिकारी आनी मामलेदारांसारख्या अधिकार्यांनी लोकांक वेळोवेळ आवश्यक आशिल्ल्या प्रशासकीय सुदारणांची म्हायती दिवची तशेंच कार्यक्षम सेवा दिवपाची पद्दत सुलभ करपाक सरकाराक मदत करची, अशें मुख्यमंत्र्यांन सांगले. सरकारी जागेचेर मोठ्या प्रमाणात अतिक्रमणां केल्ली आसात आनी अशीं अतिक्रमणां थांबोवपाखातीर उपाय करपाची गरज आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

महसूल मंत्री श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात हांणी महसूली विभागाच्या अधिकाऱ्यांक लोकांक वेळार आनी पारदर्शक सेवा दिवन सरकाराची प्रतिमा सुदारपाक मदत करपाक सांगले.

मुख्य सचीव श्री. परिमल राय हांणी अधिका-यांक कचेरींनी येवपी लोकांचे प्रस्न बरे बशेंन जाणून घेवन ते सोडोवपाक प्राधान्य दिवपाक सांगले. सरकाराची काम करपाची कार्यक्षमता चड करून महसूल विभागातल्यान दिसून येता तांचेकडेन कायदेशीर नेमांचेर नियंत्रण राखपाचे अधिकार आसतात तशेंच लोककल्याणकारी कामां करपाचेय अधिकार

आसात, अशें सांगून तांणी  अधिकाऱ्यांक आपले अधिकार जाणून काम करपाक सांगले.

महसूल सचीव श्री. संजय कुमार हांणी गोंयांत महसूल विभाग देशातल्या हेर विभागांपरस बरे काम करता म्हणपाचे सांगले. प्रशासनाची प्रतिश्ठा प्रशासनातल्या उच्च अधिकाऱ्यांचेर  अवलंबून आसा आनी त्या खातीर गोंयच्या महसूल विभागातल्या सेवांनी आधुनिकता हाडपाखातीर सहकार्य करपाची मागणी केली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/389

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa